## राष्ट्रपती कडल्यान गोंय विद्यापिठाच्या शिक्षणीक उपक्रमांची तोखणाय

ता. 23 ऑगस्ट 2023

भारताच्यो राष्ट्रपती श्रीमती द्रौपदी मुर्मू हांणी गोंय विद्यापीठ आनी विद्यार्थ्यांच्या उल्लेखनीय कामगिरीचेर समाधान व्यक्त करून विद्यापिठाचे शिक्षणीक उपक्रम आनी नवसंकल्पनांची तोखणाय केली. राष्ट्रपती आयज राजभवन दरबार हॉलांत आयोजीत गोंय विद्यापिठाच्या 34 व्या दिक्षांत सुवाळ्याक मुखेल सोयरी म्हूण उलयताल्यो.

राष्ट्रपतीन म्हणलें, गोंय विद्यापिठातल्या पदवीधर विद्यार्थ्यांमदीं 55 टक्के पदवीधर चलयों आसून हे शिक्षणातल्या लिंग समानतेच्या दिकेन उत्कृश्ट प्रगतीचे लक्षण आसा. चली विद्यार्थ्यांनी आपल्या शिक्षणात बरी प्रगती केल्ली आसून आयज भांगरा पदकां मेळोवपी विद्यार्थ्यांदीं 60 टक्के चलयों आसात, ही खुशालकायेची गजाल आसा. ह्या कामगिरीतल्यान चलयांचे सक्षमीकरण आनी गुणवत्ता दिसून येता आनी तांका आत्मविश्वास आनी सामर्थ्यान फुडें वचपाक उर्बा मेळटा.

गोंय विद्यापीठाच्या आधुनिक शिक्षण पद्धतींच्या कार्याची तोखणाय करून राष्ट्रपती मुर्मू हांणी राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण 2020 खाला विद्यापिठावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी आंतरशिक्षणशाखा कार्यक्रमांचो उल्लेख केलो आनी शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपाखातीर कुशळटाय विकास, उद्देगीक संलग्नता आनी रोजगार क्षमता हांचेमदीं समन्वय म्हत्त्वाचो आशिल्ल्याचे सांगलें.

आयच्या संवसारात तंत्रज्ञान आनी नवसंकल्पनाची भूमिका म्हत्वाची आशिल्ल्याचे सांगून राष्ट्रपतीन गोंय विद्यापिठान खास करून आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स आनी डेटा सायन्स ह्या सारख्या नवीन उपक्रमांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर सुरू केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय केली आनी उच्च शिक्षण संस्थांनी अशा क्षेत्रांत जागतिक दर्जाची क्षमता विकसित करपाची गरज उक्तायली.

गोंय विद्यापीठ, उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या सहकार्यान 'डिजिटल इंटिग्रेटेड सिस्टीम फॉर होलिस्टिक टीचिंग अँड व्हर्च्युअल ओरिएंटेशन्स' उपक्रम राबयता. ह्या उपक्रमातल्यान प्रभावी अध्यापन आनी शिक्षण पद्धतींखातीर तंत्रज्ञानाचौ वापर करपा बाबतीत विद्यापीठाची कटीबद्दता दिसून येता. गोंय विद्यापिठाचे खाशेलपण म्हळ्यार कॅम्पसात आंतरशिक्षण शाखांची स्थापणूक, विविध विभागांमदीं सहकार्य वाडोवपा बाबतीत सुरू केल्ले उपक्रम राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या बाबतीत म्हत्वाचे आसात आनी अशा उपक्रमांतल्यान शिक्षण, संशोधन आनी नवसंकल्पाना बाबतीत उत्कृश्ट केंद्र जावपाची संस्थेची क्षमता वाडटा, अशें राष्ट्रपतीन सांगलें.

विद्यापिठाचो आनीक एक म्हत्वाचो उपक्रम म्हळ्यार, 'उन्नत भारत अभियान' ज्या उपक्रमाखाला गोंय विद्यापिठान शिनाण्यो पोसपी आनी अळमीं लागवड करपी पाच गांव दत्तक घेतिल्ले आसात. राष्ट्रपती मुर्मू हांणी विद्यार्थ्यांमदीं सामाजीक जाण आनी पर्यावरण संतुलनाच्या मूल्यांची रुजवण केल्ले खातीर राष्ट्रपती मुर्मू हांणी संस्थेची तोखणाय केली.

राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण 2020 ची तुस्त करून सगळ्यां पदक आनी पुरस्कार जैतवंत पदवीधर विद्यार्थ्यांचे अभिनंदन केले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्त दीक्षांत सुवाळ्याक उपस्थित आशिल्लें.

गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू प्रो. हरिलाल बी.मेनन हांणी येवकाराचे उलवप केले.

वट्ट 9290 विद्यार्थ्यांक पदवी, 1859 विद्यार्थ्यांक पदव्युत्तर पदवी, 116 विद्यार्थ्यांक डिप्लोमा आनी 61 रिसर्च स्कॉलर्सांक डॉक्टरेट पदव्यो भेटयल्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/661

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity


Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.